*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

-

**सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निबंध**

ता. 2 डिसेंबर 2019

कर्नाटक राज्यातल्या 15 विधानसभा मतदार संघांखातीर पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्यान कर्नाटकातल्या कारवार आनी बेळगांवी जिल्ल्याच्या शिमेसावन 5 किलोमिटराच्या आवाठांतल्या गोंय राज्यांतल्या काणकोण तालुक्यातल्या पोळे आनी सत्तरी तालुक्यातल्या सुर्ला गांवांतली सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बारां आनी दुकानां ता. 3 डिसेंबराच्या शुन्य वरासावन ते ता. 5 डिसेंबराच्या मध्यांन्न रातीमेरेन आनी ता. 9 डिसेंबराक मतमेजणीच्या दिसा शुन्य वरासावन ते मध्यान्न रातीमेरेन बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. बार आनी रेस्टोरंट आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले.

तशेंच वयल्या काळांत सोरो येरादारी वा लागी बाळगुपाकय निबंध लागू केल्लो आसून पोळे आनी सुर्ला वाठारांत खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/822

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA